Panaji National

13 June 2026 6.30 PM

IMA Passing Out Parade

उत्तराखंडांतल्या देहरादूनान भारतीय लश्करी अकादेमींत 158 वी ‘पासिंग आउट परेड’ जाल्ल्यान आयज भारतीय सैन्यान 481 नव्या तरणाट्या अधिकाऱ्यांक येवकार दिलो. ह्यावेळार राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी कॅडेटांची तोखणाय केली, खासकरून महिला कॅडेटांक सैन्यान पळोवन तांणी म्हटलें...(byte)

PM Modi Tour

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी स दिस फ्रांस आनी स्लोव्हाकियाच्या दौऱ्यार असतलें. हे भेटीतल्यान भारत आनी फ्रांस हांचे मदीं अर्थीक आनी संस्कृतीक संबंद घटमूट करपाचेर भर दितले. स्लोव्हाकिया हें युरोपीय संघाचें म्हत्वाचें आनी मोलादीक वांगडी राज्य आनी म्हणून ह्या भेटेक लागून युरोपीय संघटने वांगडा भारताक नवी चाल मेळटली अशें तांणी सांगलें.

Indian Youth

विज्ञान, तंत्रगिन्यान ते उत्पादन, अंतराळ आनी ड्रोन ह्या वेगवेगळ्या मळार भारतांतले तरणाटे आपली वळख निर्माण करतात अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी म्हटलां. आयज भारत संवसारांतलो एक मुखेल ‘स्टार्टअप’ हब जाला आनी ह्या यशांत देशांतल्या विंगडविंगड वाठारातल्यां तरणाट्यांचो अस्पाव असा अशें सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत तांणी नदरेक हाडलें.

IAF AN-32 Crash

भारतीय वायुसेनेचें एएन-32 मालवाहक विमान आयज सकाळीं आसामांतल्या जोरहाट नावाच्या हवाई दळ तळाचेर उड्डाणा वेळार अपघाती जालें. ह्या अपघातांत पांच जवानांक मरण आयिल्ल्यान संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हांणी दुख्ख उक्तायलां. सोशल मिडियाचेर तांणी केल्ल्या पोस्टांत ह्या जवानांनी कर्तव्याच्या वळीक सर्वोच्च बलिदान दिल्याचें सांगलें. तांचे धैर्य आनी तांच्यांनी केल्ली देशाची सेवा सदांच अभिमानान आनी उपकारान याद उरतली असोय उल्लेख केला. तशेंच तांणी दुख्खी कुटुंबांक काळजा थावन दुख्ख उक्तायलें. मजगती ह्या अपघाताचें कारण सोदून काढपाचो आदेश दिला.

Rajnath Singh

डीआरडीओन बहुस्तरीय बॅलिस्टीक क्षेपणास्त्र संरक्षण क्षमता सिद्ध करपा खातीर सलग तीन यशस्वी उड्डाण चांचण्यो केल्यो, ह्या वेळार उलयताना संरक्षणमंत्री राजनाथ सिंग हांणी सांगलें....

## America Attack

आखातांत अमेरिकेच्या नौदळान एका तेल व्हरपी टँकराचेर केल्ल्या हल्ल्यात तीन भारतीय खलाश्यांक मरण आयिलें. भारतान अमेरिकेकडेन ह्या हल्ल्याचो खर निशेध केला. परराश्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हांणी अमेरिकेचें विदेश सचीव मार्को रुबियो हांचे कडेन उलयतना वेपारी जहाजां आड अशी घातक कारवाय करप चुकीचे असल्याचें नदरेक हाडून दिलां. कांय दिसां आदीं ओमान दर्यादेगेर 'एमटी सेट्टेबेलो' ह्या टँकराचेर अमेरिकेन केल्या हल्ल्यांत भारतीय खलाश्यांक मरण आयिलें, ही चर्चा घडणुके उपरांत कांय दिसांनी जाल्या, आनी ताचेर भारतान खर प्रतिक्रिया दिल्या.

## Pakistan News

पाकिस्तान व्याप्त काश्मीरांत इस्लामाबादाच्या थेट नियंत्रणाचो भंय आशिल्ल्यान निशेध चड खर जाला. पाकिस्तान सरकारान उलोवपाचो प्रस्ताव दिल्लो तरी जॉइंट अवामी ॲक्शन कमिटीन तीं निरर्थक प्रक्रिया म्हणून तो प्रस्ताव मान्य केलो ना. आता भासाभास करून कसलोच फायदो ना, कारण पाकिस्तानांतल्या सत्ताधारी सरकारान केन्नाच आश्वासनां पाळूंक ना अशें जॉइंट अवामी ॲक्शन कमिटीन म्हटलां. खबरां एजन्सींच्या म्हणण्या प्रमाण पाकिस्तान सरकाराक चालू आशिल्ले निशेध हाताळप चड कठीण जायत आसा.

## Weather

भारतीय हवामान खात्यान आयज आसाम आनी मेघालयांत  व्हड पावस पडपाचो अदमास काडला. फुडल्या दोन दिसांत अरुणाचल प्रदेश, बिहार, केरळ, माहे, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम, त्रिपुरा, ओडिशा, उपहिमालयन अस्तंत बंगाल आनी सिक्किम ह्या वाठारांनी व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा. तशेंच कोंकण, गोंय, कर्नाटक, तेलंगणा हांगाय अशीच परिस्थिती आसपाची शक्यताय आसा.  मजगतीं, मराठवाडा, विदर्भ आनी अस्तंत राजस्थानांत आयज उश्णताय ल्हारां येवपाक शकता अशें हवामान खात्यान कळीत केलां.

## Sports

2026 वर्साच्या फिफा विश्वचषकांत आयज रातीं सॅन फ्रांसिस्को बे एरिया स्टेडियमाचेर गट बी मॅचींत कतार स्वित्झर्लंडाआड खेळटलो.  हो खेळ भारतीय वेळेप्रमाणे रातच्या 12:30 वरांचेर सुरू जातलो.